Panaji Regional 3rd March 2025 7.25am

गणेश 200

आतां ह्यान फुडें रेंट अ काराक परवाने दिवचे ना, अशी घोशणा राज्य येरादारी संचालनालयान केल्या. रस्ते सुरक्षा, येरादारी कोयंडी आनी नेम पाळप ना हाचे कडेन संबंदीत चिंता लक्षांत घेवन लोकांच्या बऱ्या खातीर हो निर्णय घेतला. अपघातांत सांपडिल्ल्या वाहनांचो विचार केल्यार भाडेपट्टीचेर घेतिल्ल्या वाहनांचो सगळ्यांत चड वांटो आशिल्ल्याचें दिसून आयलां. पर्यटकांकडल्यान जायते फावट सोऱ्याचे धुंदींत निश्काळजीपणान गाडी चलोवप जाता आनी हाका लागून भिरांकूळ अपघात जातात, अशें येरादारी संचालक परीमल अभिषेक हांणी म्हणलें. राज्य येरादवरी संचालनालयाच्या निर्णयाचे फाटभूंयेर, तांणी एक भौशीक सुचवणी जारी करीत अर्जदारांक रेंट अ कार परवान्यां खातीर कसलेच नवे अर्ज सादर करचे न्हय अशें आवाहन केलां. आता रेंट अ कारीक लागून जरी पर्यटकांक तांचे सोयी प्रमाण जाय थंय, जाय तशें भोंवपाची मेकळीक जरी आसली तरी सोरो वा घुवळे वखदांचे घुवळेंत बेकायदेशीरपणान गाडयो चलयिल्ल्यान जायते फावट अपघात घडिल्ल्यान जायत्या जाणांनी जीव वगडायला. पयशांच्या हांयसान खाजगी वाहनांय भाड्याक दिवपाचें चलन वाडलां. राज्य येरादारी संचालनालयान हाचेर कारवाय करपाक सुरू केल्ल्यान आतां नव्यो सुचवण्यो जारी केल्यात. पयलीं असो गुन्यांव करप्यांक १० हजार रुपयांचो दंड करतले. परत परत नेम मोडल्यार आनीक खर दंडाची वसुली करतले.

मजगतीं, अंदू पयल्या दोन म्हयन्यांनी येरादारी नेम मोडिल्ल्या ५०१० रेंट अ कार आनी रेंट अ बायकांचेर येरादारी खात्यान कारवाय केल्या. हातूंत १३८१ रेंट अ कॅब आनी ३६२९ रेंट अ बायकांचो आसपाव आसा.

Jan - 85

एनसीटीईची मान्यताय मेळे उपरांत गोंय विद्यापीठ २०२५-२६ शिक्षणीक वर्सा सावन ४ वर्सांचो एकत्रीत शिक्षक शिक्षण अभ्यासक्रम सुरू करतलें. ह्या अभ्यासक्रमां खातीरचो प्रवेश राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी म्हळ्यार एनटीए वरवीं जावपी राष्ट्रीय समान प्रवेश परीक्षे वरवीं जातलो.

१२ वी पास विद्यार्थी ह्या अभ्यासक्रमा खातीर अर्ज करपाक पात्र आसात. हो अभ्यासक्रम २०२५- २६ शिक्षणीक सत्रांत वेंचून काडिल्ल्या केंद्रीय आनी राज्य विद्यापिठांनी, आयआयटी, एनआयटी, प्रादेशिक शिक्षण संस्था, सरकारी म्हाविद्यालयांनी, आनी हेर मान्यताय प्राप्त संस्थांनी सुरू जातलो. एनसीईटी परीक्षा भारतांतल्या १७८ शारांनी, १३ भाशांनी आनी संगणक आदारीत चांचणी - सीबीटी स्वरूपांत जातली.

जाण 200

कायद्याची अंमलबजावणी करपाची तांक वाडोवपा खातीर गोंय पुलिसांनी भारतीय न्याय संहिता (बीएनएस), भारतीय नगरीक सुरक्षा संहिता (बीएनएसएस), आनी भारतीय साक्ष अधिनियम (बीएसए) अश्या तीन नव्या गुन्यांवकारी कायद्याचेर कोंकणींतल्यान प्रशिक्षण अभ्यासक्रम सुरू केल्यात. हे अभ्यासक्रम कर्मयोगी पोर्टलाचेर लेगीत उपलब्ध आशिल्ल्यान , कसल्याय संदर्भाखातीर आता कोंकणी माहिती उपलब्ध जातली.गोंय पुलिसांनी तीन नवे गुन्यांवकारी कायदे चालीक लायल्या उपरांत गुन्यांवकारांक अटक करपांचे आनी तांका ख्यास्त दिवपांचे प्रमाण बरेंच वाडला. १ जुलय २०२४ सावन हे तीन नवे गुन्यांवकारी कायदे लागू जाले. ते उपरांत गोंय पुलिसांनी बीएनएस खाला १ हजार २३२ केशी परतून नोंद केल्यात अशी पुलिसांनी म्हायती दिल्या. २३ प्रकरणांत खटले पुराय जाले आनी न्यायालयांनी निर्णय दिले, जातूंत २१ प्रकरणां दोशी थारली. गोंय पुलीस कर्मचाऱ्यांनी तीन नव्या गुन्यांवकारी कायद्यांविशीं साबार प्रशिक्षण कार्यावळी घेतल्यात आनी हे संबंदी वेगवेगळीं जागृताय सत्रांय चालू आसात अशें ह्या विशिंच्या खबरेंत म्हळां.

गोविंद गावडे - 70

गांवगिऱ्या वाठारांत क्रिकेटीक उर्बा दिवपा खातीर जायत्यो सुविधा उपलब्ध करपाचो सरकाराचो यत्न आसा. आंतरराष्ट्रीय दर्जाचें क्रिकेट स्टेडियम दिवचल भागांतूच उबारपा खातीर आमी यत्न करतात, अशें खेळां मंत्री गोविंद गावडे हांणी सांगलें. भतग्राम महोत्सवा निमतान दिवचले आयिल्ले मंत्री गोविंद गावडे हांकां पत्रकारांनी विचारलें तेन्ना तांणी हे विशीं आपली भुमिका स्पश्ट केली.बीसीसीआयचे समितीचेर रोहन देसाय हांची निवड जावप हें गोंयच्या क्रिकेट मळार म्हत्वाची घडणूक आसा. आपूण ताका विशेश परबीं भेटयतां अशें मंत्री गावडे हांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री विश्र्वकर्मा येवजणेखाला गोंयांत ३४ हजार कारागीर नोंद जाल्यात.तांतुतलया ४ हजार जाणानी १८ मळांचेर आपलें प्रशिक्षण पुराय केलां.पुण प्रशिक्षण पुराय केल्ल्यानी रीणाखातीर अर्ज केल्ल्या चार हजार कारागिरां मदलया फकत ११५ जाणाक हे येवजणे खाला रीण मेळ्ळां.सगळ्यांत चड मागणी शिंपी वेवसायांत आसा.ह्या मळार १८ हजार जाणांनी नोंदणी केल्या अशी म्हायती हस्तकला,कापड,आनी कांदो खात्यान दिल्या.प्रधानमंत्री विश्र्वकर्मा येवजणेखाला जे पारंपारीक वेवसाय आसात तांकां उर्बा दिवपा खातीर ह्या वेवसायांतलया मळार सरकार तांकां प्रशिक्षण दिवन तांचें कुशळटाय उदरगतिचेर काम करता.गोंयांत ही येवजण चालीक लावपा खातीर केंद्रान हस्तकला,कापड,आनी कांदो खात्याक नोडल एजंसी म्हण नेमला.हे येवजणेखाला खातें कारागिरांक प्रशिक्षण,टूल,कीट,१५ हजार मानधन आनी वेवसाय करपाखातीर रीण मंजूर करुन दिता.